०९.०७.०२०२५ सकाळी ७.२५ वरां

आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

बायलांचे सक्षमीकरण जावप महत्वाचे .गोंयात आप मजत गटांच्या बायवांक  रिण दिवन तांच्या उत्पादनांच्या निर्मिती करपा पासत मार्केटींग करपामेरेन सरकार तांका मजत करता. बँकीनी तांक रिण दिल्यापासुन ह्या गटांक आनीक बरे बळगे आयला. गोंयात सुमार  3250 आप मजत गट आसात, जाल्यार ह्या गटांनी वेगवेगळ्यो वस्तु विकुन 350 कोटी रुपयाची उलाढाल केला. 3250 गटापैकी फकत 1120 गटांनी बँकाकडल्यान रिण घेतला, जर  राज्यातले सगळे आप मजत गट रिण घेवन  उत्पादन निर्मिती आनी विक्री करपाक मुखार सरत जाल्यार 900 कोटी रुपया उलाढालीची ताक राज्यातल्या आप मजत गटांच्या  बायलांमदी आसा असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. बॅकांनी आप मजत गटांक  सक्षम करपाक मजत करची अशें आवाहन तांणी केला.  बायट

अनुभुती ह्या national conference on fianancial inclusion ह्या कार्यावळीत ते उलयताले. . कैंद्रिय गांव उदरगत मंत्रालयान ,goa state rural livlihood mission च्या जोडपालवान 3 दिसाची ही परीशद गोंयांत पणजे आयोजित केल्या. ह्या परीशदेत  देशभरातले बॅक अधिकारी, तशेंच वेगवेगळ्या राज्यतल्या rural livlihood missionच्या अधिकाऱ्यांनी वाटो घेतला.

गोंय कामगांर कल्याण मंडळ गोंयातल्या उद्देगीक कामगारांच्या फायद्याखातीर अनेक कल्याणकारी येवजण्यांची अंमलबजावणी करता. 2025-2026 वर्सा खातीरय राज्यातल्या पात्र उद्देगीक कामगारांक ह्या येवजण्यांखाला मदत आनी लाव दिवपाचो मंडळाचो प्रस्ताव आसा. उद्देगीक कामगार वा कर्मचाऱ्यांच्या शाळेत वचपी भुरग्यांक पुस्तकां, चोपड्यों खरेदी करपा खातीर आर्थिक मदत, पयली ते चौथी मेरेनच्या वर्गात शिकपी भुरग्यांखातीर गणवेशाचो एक जोड पुरवण करपा खातीर आर्थिक मदत, शाळां आनी महाविद्यालयांनी शिकपी भुरग्यांक शिश्यवृत्ती येवजण, मंडळ वा विद्यापीठाच्या निमण्या परीक्षेत घेतिल्ल्या गुणांच्या आदाराचेर आर्थिक मदत येवजण. चली विद्यार्थीनीक शाळां/महाविद्यालयांतल्या हजेरी प्रमाण 5 वी वर्गा सावन फुडल्या खंयच्याय क्षेत्रातल्या शिक्षणामेरेन अर्थिक मदत येवजण. ह्या शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर अर्ज करपाची निमणी तारीख 30 सप्टेंबर 2025 अशी आसा. शिक्षणीक येवजणांचो लाव घेवपा खातीर कामगार स म्हयन्यांपरस चड काळ सतत सेवेत आसपाक जाय.  ह्या येवजणांचो लाव घेवपा खातीर उद्देगीक कामगार आनी कर्मचाऱ्यांनी आपल्या मालकांमार्फत सचिव, गोंय कामगांर कल्याण मंडळ, श्रमशक्ती भवन, चौथो माळो, पाटो प्लाझा, पणजी गोंय ह्या नाम्याचेर अर्ज करचे अशे जाळवणदारानी मागला.

नौदळान 11 जुलय 2025 दिसा हेडलॅण्ड सडा-मुरगांव हांगा नौदळाच्या जवानांखातीर सकाळी 9.00 ते दनपारा 1.00 वरा मजगती फारपेट सराव प्रशिक्षण आयोजीत केला. मुरगांव हेडलॅण्ड सडासावन दर्यावटेनच्या 15 मैल वाठारामेरेन फारपेट सराव जातलो आनी ह्या वाठारांत प्रवेश करप धोक्याचें आसतले. ते खातीर फारपेट सरावाच्या काळात बोटी, बार्जी आनी हेर नाविकांनी धोक्याच्या दर्या वाठारांत प्रवेश करचो न्हय, अशें कळीत केला.

काल राज्यांत पावस उणो पडिल्ल्यान राज्यांतल्या तापमानांत वाड जाल्या. हवामान खात्यान ८ते १३ जुलय मेरेन मध्यम पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ते प्रमाण फुडल्या स दिसांक पावसा खातीर चो येलो एलर्ट जारी केला. फुडल्या तीन दिसांत राज्यांत चडांत चड तापमान ३१ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २५अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.